*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*<u>सरकारी पत्रक</u>*

## **अनुसुचीत जमाती वित्त आनी उदरगत महामंडळाच्या येवजणांचेर जागृती कार्यक्रम जालो**

ता. 8 नोव्हेंबर 2019

गोंय राज्य अनुसुचीत जमाती वित्त आनी उदरगत महामंडळान हालीच गोंय राज्य एडस् नियंत्रण संस्थेच्या जोडपालवान ओल्ड गोवा पंचायत सभाघरात महामंडळाच्या येवजणांचेर जागृताय कार्यक्रमाचे आयोजन केल्ले.

गोंय राज्याचे आदिवासी कल्याण मंत्री श्री. गोविंद गावडे हांचे हस्तुकीं कार्यक्रमाचे उकतावण जाले. थळावे आमदार श्री. पांडुरंग मडकयकार, सरपंच श्रीमती जनीता मडकयकार, महामंडळाचे अध्यक्ष श्री. दुर्गादास गावडे, वेवस्थापकीय संचालक आग्नेलो फर्नांडिस, गोंय राज्य एडस् नियंत्रण संस्थेच्यो प्रकल्प संचालीका डॉ. अंजलीका सियोना गोम्स आनी श्री. रोहिदास दिवाडकर व्यासपीठाचेर हजर आशिल्ले.

ह्या वेळार उलयताना श्री. गोविंद गावडे हांणी आदिवासी समाजातल्या लोकांनी गोंय राज्य अनुसुचीत जमाती वित्त आनी उदरगत महामंडळ तशेंच आदिवासी कल्याण आनी हेर सरकारी खात्यांकडल्यान आदिवासी लोकांच्या कल्याणा खातीर अंमलबजावणी करपात येवपी विंगड विंगड येवजणांचो फायदो घेवन आपली उदरगत करपाचो उलो मारलो.

आदिवासी समाजातल्या सुशिक्षीत तरणाट्यांक आपरोजगार सुरू करपाक रीण येवजण, घर बांदकाम वा दुरूस्ती खातीर येवजण अशों साबार येवजणों राबोवपात येता, अशें तांणी सांगले.

श्री. कुणाल मोरजकार हांणी गोंय राज्य अनुसुचीत जमाती वित्त आनी उदरगत महामंडळाच्या येवजणांची म्हायती दिली जाल्यार योगीनी आचार्य हांणी आदिवासी कल्याण खात्याच्या येवजणांची म्हायती दिली. तशेंच श्री. तुषार सावंत आनी सर्वेश नाईक हांणी सरकारच्या वेगवेगळ्या येवजणांचो लाव घेवन आपरोजगार सुरू करपाविशीं मार्गदर्शन केले.

गोंय राज्य एडस् नियंत्रण संस्थेच्यो डॉ. अंजलीका सियोना गोम्स हांणी एडस् दुयेंसा पासून कशें पयस रावप आनी कशी सावधगिरी बाळगुवप हे विशीं मार्गदर्शन केले. डॉ. प्रज्योती भगत हांणी संस्थेच्या कार्याची म्हायती दिली. श्री. महेश गोवेंकर हांणी सकारात्मक विचारांतल्यान जीण कशी जगप हे विशीं मार्गदर्शन केले. श्री. रमेश राठोड हांणी ह्या मळार वावरूपी बीगर सरकारी संस्थांच्या कार्याची म्हायती दिली.

श्री. शाबलो पर्येकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले. श्री. नितीन सावंत हांणी उपकार मानले.

तिसवाडी तालुक्यातले लोक व्हडा संख्येन ह्या कार्यावळीक उपस्थित आशिल्ले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/784


DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.

THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,

NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA